# दिव्यांग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणाखातीर राष्ट्रीय पुरस्कार 2017

ता. 4 ऑगस्ट 2017

13 श्रावण 1939

केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयावतीन दिव्यांग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणाखातीर राष्ट्रीय पुरस्कार दितात. दर एका सकयले श्रेणी दिव्यांग व्यक्तींच्या सबलीकरणाखातीर पुरस्कार दिवपाखातीर अर्ज मागयल्यात. दिव्यांग आशिल्लो उत्कृष्ट कर्मचारी आनी स्वयंरोजगारी-या वर्गांत दादलो आनी बायल अशे दोन पुरस्कार दितात. रोख 50 हजार, प्रमाणपत्र आनी पदक अशे पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

उत्कृष्ट मालक आनी रोजगार दिवपी अधिकारी/आस्थापन-उत्कृष्ट मालक 1 लाख, पदक आनी प्रमाणपत्र स्वरूपात तीन पुरस्कार आनी रोजगार दिवपी अधिकारी आस्थापन वर्गांत 50 हजार, प्रशस्तीपत्र आनी पदक स्वरूपात दोन पुरस्कार दितात.

उत्कृष्ट वैयक्तीक व्यवसायी आनी दिव्यांग व्यक्तीखातीर काम करपी उत्कृष्ट संस्था-उत्कृष्ट वैयक्तीक वर्गात रोख 1लाख, प्रशस्तीपत्र दोन पुरस्कार आनी उत्कृष्ट संस्था वर्गात 2 लाख आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात दोन पुरस्कार दितात.

आदर्श पुरस्कार- या वर्गात दादलो आनी बायल प्रत्येकी एक पुरस्कार रोख 1 लाख आनी प्रमाणपत्र स्वरूपात दितात.

दिव्यांगांची जीण सुधारपाखातीर उत्कृष्ट संशोधन/उपकरणांचो विकास-रोख 1 लाख आनी प्रमाणपत्र स्वरूपात दोन पुरस्कार दितात.

दिव्यांगाखातीर विना अडथळे काम करपाखातीर बरे वातावरण निर्मिती- एका सरकारी खात्यात प्रशस्तीपत्र आनी मानचिन्ह, थळावी संस्था, खाजगी संस्था वा बिगर सरकारी संस्था रोख 2 लाख, मानचिन्ह आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात प्रत्येकी एक पुरस्कार दितात.

पुर्नवसणूक सेवा दिवपी उत्कृष्ट जिल्हो-प्रशस्तीपत्र, मानचिन्ह आनी पदक स्वरूपात एक पुरस्कार दितात.

राष्ट्रीय दिव्यांग आर्थिक आनी विकास महामंडळाची उत्कृष्ट राज्य चॅनलायजिंग यंत्रणा-प्रशस्तीपत्र,पदक आनी मानचिन्ह स्वरूपात पुरस्कार दितात.

दिव्यांग सृजनशील उत्कृष्ट प्रौढ व्यक्ती-दादलो आनी बायल अशे दोन पुरस्कार रोख रूपये 50 हजार, प्रशस्तीपत्र स्वरूपात दितात.

दिव्यांग सृजनशील उत्कृष्ट भुरगे-एक चलो आनी एक चली रोख 50 हजार रूपये,पदक आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात दितात.

उत्कृष्ट ब्रेल प्रेस-रोख 1 लाख आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात एक पुरस्कार दितात.

उत्कृष्ट संकेतस्थळ-सरकारी, खाजगी थळावी संस्था वा पीएसयू प्रत्येकी एक पुरस्कार ढाल आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात दितात.

दिव्यांग व्यक्तींच्या सबलीकरणाखातीर कार्य करपी उत्कृष्ट राज्य-ढाल,मानचिन्ह आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात एक पुरस्कार दितात.

उत्कृष्ट दिव्यांग खेळगडो-दादलो आनी बायल रोख रूपये 1 लाख, ढाल, मानचिन्ह आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात पुरस्कार दितात.

हे पुरस्कार ता. 3 डिसेंबर 2017 दिसा आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग व्यक्ती दिस सुवाळयात राष्ट्रपती हस्तुकीं भेटयतले.

विहीत नमुन्यातील अर्ज ता. 10 ऑगस्ट 2017 मेरेन संचालक, समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा पावपाक जाय. उसरा आयिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात. चड म्हायतीखातीर समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून, पणजी, फोन नं.(0832)2232257,2223784 वा www.disabilityaffairs.goa.in नं. 011-24369058 हांगा संपर्क करचो.